# कामगार कल्याण मंडळाची बसका

ता. 8 ऑक्टोबर 2017
17 कार्तिक 1939

गोंय कामगार कल्याण मंडळाची 44 वी बसका काल सचिवालयात जाली. येणावळमंत्री श्री. रोहन खंवटे बसकेच्या अध्यक्षस्थानार हजर आशिल्ले. आयटकचे फुडारी श्री. ख्रिस्तोफर फोंसेका, कारखाने आनी बाश्पक खात्याचे मुख्य निरीक्षक श्री. विवेक मराठे आनी मंडळाचे वांगडी बसकेक हजर आशिल्ले.

कामावयल्यान कमी केल्ल्या कामगाराखातीर मदत येवजण, मंडळाच्या कार्यालयाखातीर सॉफ्टवेअर खरेदी, मंडळाच्या कर्मचाऱ्यांखातीर सातवो वेतन आयोग लागू करप आनी हेर प्रस्नांचेर बसकेत चर्चा जाली.

श्री. खंवटे हांणी कामगार कल्याण येवजणांनी सुदारणा करून तांची योग्य तरेन अंमलबजावणी करपाक सांगले. श्री. खंवटे हांणी गोंय इमारत आनी हेर बांदकाम कल्याण मंडळाच्याय बसकेक हजर रावन संघटीत आनी असंघटीत कामगारांच्या कल्याणाखातीर अंमलबजावणी करपात येवपी वेगवेगळ्या येवजणांचो नियाळ घेतलो.